# 23 फेब्रुवारी 2025, प्रादेशीक खबरो , सांजेची 7.20 वरां.

## मुखेल खबरो

अंतराळ मळार आनी कृत्रीम बुध्दीमत्तेंत भारतीय तरणाट्यांचो वाडत वचपी सहभाग नवे क्रांतीक जल्म दिता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळींत उलयतनां सांगलां.

मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी एका दिसाचे भोवंडे निमतान केरळांतल्या कोचीं शारांत कोंकणी उलोवपी लोकां वांगडा संवाद साधलो. तशेंच तांच्या सांगातान प्रधानमंत्र्यांची मन की बात कार्यावळ आयकली.

गोंय विधानसभेच्या अधिवेशनांत सादर जावपा आशिल्ल्या अर्थसंकल्पाक फकत एक म्हयनो आशिल्ल्यान खात्या वतीन अर्थसंकल्पाची तयारी नेटान सुरू आसा.

सगळया धर्मांक आनी समाजाक एकठांय हाडपाचें काम देवस्थानां करतात अशें राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी म्हळां.

वास्कोच्या रविंद्र भवनाचे वतीन फाल्यां सावन 26 फेब्रुवारी मेरेन कोंकणी चित्रपट महोत्सव जातलो.

पीएम मन की बात

अंतराळ मळार आनी कृत्रीम बुध्दीमत्तेंत भारतीय तरणाट्यांचो वाडत वचपी सहभाग नवे क्रांतीक जल्म दिता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान आयज प्रधानमंत्र्यान लोकां कडेन संवाद सादलो. हो हे कार्यावळीचो एकशें एकोणिसावो भाग आशिल्लो. नवें तंत्रगिन्यान स्विकारून तें आपणावपाक भारतांतले लोक मुखार आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

फाटल्या म्हयन्यांत इस्त्रोचें शंभरावें रॉकेट प्रक्षेपण जाल्याचें प्रधानमंत्र्यानीं सांगलें. इस्त्रोच्या येसाची व्याप्ती खूब व्हड आसा अशें सांगून  इस्त्रोच्या स्थापने सावन आतां मेरेन मेळिल्ल्या कामगिरीचो नियाळ तांणीं घेतलो.

अंतराळ मळा प्रमाण भारतूय कृत्रिम बुध्दीमत्तेच्या मळार आपली वळख नेटान स्थापन करपाक लागला अशें तांणी सांगलें. ह्या मळावेल्या संदर्भांत पॅरिसांत जाल्ले परिशदेंत भारताचें प्रगतीची संवसार तोखणाय करता ताचो अणभव प्रधानमंत्र्यांनीं प्रेक्षकां मुखार मांडलो.

फुडल्या दिसांनी आमी राष्ट्रीय विज्ञान दीस मनयतले हाचो उगडास करून दितनां आमच्या भुरग्यांक विज्ञानाची आवड जावप गरजचें आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्री मोदी हांणीं सांगलें.

हें नदरेन तांणीं ' एका दिसा खातीर विज्ञानीक' ही कल्पना मांडली. नागरिकांनी आपल्या सोयी प्रमाण एक दीस वेंचून काडून संशोधन प्रयोगशाळा, ग्रहालय वा अंतराळ संशोधन केंद्रांक भेट दिवन शास्त्रज्ञ

म्हणून जिणेचो अणभव घेवचो अशें आवाहन प्रधानमंत्री मोदी हांणीं केलें.

फुडल्या म्हयन्यांत 8 मार्चाक मनोवपी संवसारीक बायलांच्या दीसा आमच्या महिला शक्तीक वंदना दिवपाची एक खाशेली संद आसा अशें तांणी सांगलें. कांय प्रेरणादायी बायलांक सोशल मिडिया खात्यांचेर आपलें

काम, मुखावेली आव्हानां, अणभव देशांतल्या लोकां मुखार मांडटलीं अशें तांणी सांगलें.

तंदुरूस्त आनी निरोगी राष्ट्र जावपा खातीर भारताक लठ्ठपणाची समस्या पयस करची पडटली अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. लोकांनीं आपल्या आहारांतल्या खावपाच्या तेलाचो वापर धा टक्क्यांनी उणो करचो अशें आवाहन ह्या वेळार तांणी केलें.

परिक्षा दिवपी विद्यार्थ्यांक खुशाल आनी ताण मुक्त रावपाचो सल्लो प्रधानमंत्र्यानीं ह्या वेळार दिलो.

मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत

इतले मजगतीं पीटीआयन दिल्ले खबरे प्रमाण गोंय राज्याचे मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हे एका दिसाचे भोवंडे खातीर केरळांत पावल्यात. हे भोवंडे वेळार तांणी कोचीत कोंकणी उलोवपी लोकां वांगडा संवाद साधलो. तशेंच तांच्या सांगातान प्रधानमंत्र्यांची मन की बात कार्यावळ आयकली.

हे वेळार तांचे कडेन संवाद साधतनां मुखेलमंत्र्यांनी प्रधानमंत्र्यांची मन की बात ही कार्यावळ भारतीय नागरिकांक देशाचे उदरगती खातीर वावुरपाक उर्बा दिवपी आसा अशें सांगलें. संबंदीत भोवंडेत

मुखेलमंत्र्यांनीं कोचींतल्या महाक्षेत्रा मजगतच्या श्री तिरूमाला देवस्वोम गोशीपुरमात भेट दिवन प्रार्थना केली.

अर्थसंकल्प 155

गोंयचे आठवे विधानसभेचें णववें अधिवेशन 24 मार्चा सावन सुरू जातलें. राज्यपाल श्रीधरन पिल्ले हांणी हे संबंदीची अधिसुचोवणी जारी केल्या. विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 24, 25 आनी 26 मार्च अशें तीन दीस चलतले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत 26 मार्चाक 2025- 2026 वर्साचो अर्थसंकल्प सादर करतले.

अर्थसंकल्पाक आतां फकत एक म्हयनो आशिल्ल्यान खात्या वतीन अर्थसंकल्पाची तयारी नेटान सुरू आसा. आतां मेरेन ८० टक्के खात्यांच्यो बसका पुराय जाल्यात. खात्याच्या मंत्र्यांक आढावो सादर केले उपरांत मुख्यमंत्री अर्थसंकल्पांतले तरतुदींचो आढावो घेतले. खातें मुखेलीं कडल्यान ही म्हायती मेळ्ळी. अधिवेशन २४ मार्च ते २६ मार्च ह्या काळांत जातलें. अर्थसंकल्पाची तारीख निश्चीत जरी नासली तरी तो २६ मार्चाक सादर जावपाची शक्यता आसा. अर्थसंकल्पाक आतां एक म्हयनो आशिल्ल्यान खात्या वतीन आता निमाणो आढावो घेतले.

अर्थ खात्या वतीन विवीध खात्यांच्यो ८० टक्के बसका पुराय केल्यात. गोवा चेंबर, लघु उद्येग संघटना, टीटीएजी, बार ऍन्ड रेस्टॉरंट ह्या संघटनांच्या प्रतिनिधीं वांगडा आतां मुख्यमंत्री बसका घेतले. ह्यो संघटना मागण्यांचें निवेदने मुख्यमंत्र्यांक सादर करतल्यो.
केंद्रीय अर्थसंकल्प फेब्रुवारींत सादर केला.

राश्ट्रपती 40

समाजसेवक स्वामी दयानंद सरस्वती हांच्या जयंती निमतान राश्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी तांका श्रद्धांजली ओंपल्यां.

स्वामी दयानंद सरस्वती हांणी शिक्षण आनी समाज सुदारणे खातीर केल्ल्या वावराक लागून समाजांत सकारात्मक बदल घडले अशें राश्ट्रपती मुर्मु हांणी सोशल मिडियावेल्या एका पोस्टा वरवीं म्हळां.

सदानंद शेट तानावडे 110

गांवांतल्या देवळांतल्यान भारतीय संस्कृतायेचें जतन जाता तशेंच संस्कृतायेचें दर्शन घडटा.गावांतलो एकचार वाडटा, सगळ्या धर्मांक आनी समाजाक एकठांय हाडपाचें काम देवस्थानां करतात अशें राज्यसभा खासदार सदानंद नेट तानावडे हाणी सांगलें.मांद्रेच्या श्री भुमिका मंदीर वाठारांत अखील गोमंतक क्षत्रीय मराठा पेडणे समितीन पेडणे म्हालांतल्या देवस्थानच्या अध्यक्षांचो भोवमान

सुवाळो आनी एकपात्री अभिनय सर्त घडोवन हाडिल्ली तें वेळार मुखेल सोयरे ह्या नात्यान सदानंद शेट तानावडे उलयताले. कार्यावळीक माचयेर तानावडे हांचे वांगडा गोमंतक क्षत्रीय मराठा समाज केंद्रीय समितीचे शाम शेट्ये,अमीत सावंत,आदली शिक्षण मंत्री संगिता परब,नयनी शेटगांवकार,पत्रकार किशोर नायक गांवकार,वेरी सरपंच अनिल शेट्ये,विजय परब,शंकर महाले आदीं मानेस्त वेदीचेर हाजीर आशिल्लें.कार्यावळींत पेडणे म्हालांतल्या सुमार तीस देवस्थानांच्या अध्यक्षांचो खासदार तानावडे हांचे हस्तुकीं भोवमान केलो.कुमारी नायक हाणी पुराय कार्यावळीचें सुत्रसंचालन केलें.

-

<u>वास्को: कोंकणी चित्रपट महोत्सव 120</u>

वास्कोच्या रवींद्र भवनान कोंकणी चित्रपट महोत्सवा खाला तीन कोंकणी चित्रपटांचें आयोजन केलां. हो महोत्सव २४ ते २६ फेब्रुवारीक जातलो. हो चित्रपट महोत्सव सगळयां खातीर मुफत आशिल्ल्याची रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष जयंत जाधव हांणी दिली.

ह्या वेळार उपाध्यक्ष डॉ. धर्मेंद्र प्रभुदेसाय, सदस्य शांताराम पराडकार, रवळनाथ पेडणेंकार, अंकुश च्यारी, दामू कोचरेकार, सदानंद घोणसेकार, दिलीप काजळे तशेंच प्रवेश आमोणकार, रवींद्र भवनाचे अधिकारी बरेश नायक हजर आशिल्ले. ह्या महोत्सवाचें उक्तावण मुरगांवचे आमदार संकल्प आमोणकार हांचे हस्तकीं जातलें. २४ फेब्रुवारीक सांजेवेळार सात वरांचेर दिग्दर्शक निहाल च्यारी हांचो 'आदेस' आनी 'सवंग' हे दोन कोंकणी शॉर्ट फिल्म दाखयतले. ताचे पयलीं 'श्री गजानन गणाराया' आनी 'श्री दामोदर म्हजा देवा' ह्या दोन म्युझीक व्हिडिओचें सादरीकरण जातलें. २५ फेब्रुवारीक सांजेवेळार सात वरांचेर 'काजरो'. जाल्यार २६ दिसा 'पेद्रू पोदेर' हें कोंकणी फिचर फिल्म दाखयतले.

<u>भाशेची धोरणां तज्ज्ञांनी आखची : संजय वालावलकार- गणेश 120</u>

भाशेची धोरणां राजकारण्यांनी न आखता तज्ज्ञांनी आखपाची गरज आसा. गोंयकारपण जपपा खातीर कोकणी भास तशेच साहित्याचेर आधारीत परिसंवाद जावपाची गरज आसा, अशें पर्वरीच्या विद्या प्रबोधिनी शिक्षण संस्थेचे अध्यक्ष संजय वालावलकार हांणी म्हणला. कोकणी साहित्यात देश आनी विदेश परिसंवादाच्या समारोपाक ते उलयताले.

साहित्य अकादेमीन उच्च शिक्षण संचालनालय आनी विद्या प्रबोधिनी शिक्षण संस्थेच्या जोड पालवान दोन दिसांच्या परिसंवादाचे आयोजन

केल्ले. शनवारा परिसंवादाचे उक्तावण जाल्ले. आयतारा सांजे समारोप जालो.

समारोपाक विद्याप्रबोधिनी शिक्षण संस्थेचे अध्यक्ष संजय वालावलकार हे अध्यक्ष आसले. साहित्य अकादेमीच्या सल्लागार मंडळाचे वांगडी शशिकांत पुनाजी हांणी समारोपाचे उलोवप केले. डॉ. पूर्णानंद च्यारी हांणी उपकार मानले. देशात वा समाजात ज्यो घडणुको जाता, ताचे प्रतिबिंब साहित्यात पडपाक जाय. कोकणी साहित्यात नव्यो वाटो आनी नवे विशय येवपाक जाय, अशें शशिकांत पुनाजी हांणी म्हणले.

<u>कोंकणी भाशा मंडळ 115</u>

ज्ञानपीठकार ,नामनेचे गांधीवादी विचारवंत आनी भारतीय साहित्यीक रविंद्र केळेकार हांच्या जल्मशती वरसा निमतान कोंकणी भाशा मंडळ गोंय हाणी फाल्यां सोमारा २४ फेब्रुवारी क सांजवेळां पांच वरांचेर मडगांवच्या रविंद्र भवनांत व्याख्यानाची कार्यावळ आयोजीत केल्या.

हे कार्यावळींत म्हात्मा गांधिजींची जीण आनी विचारांचे प्रवर्थक सातार्याचे किशोर बेडकीहाळ हे धर्मनिरपेक्षताय आनी गांधीजी ह्या विशयाचेर व्याख्यान दितले.किशोर बेडकीहाळ हे नामनेचे साहित्यीक तशेंच सामाजीक चळवळीचे कार्यकर्ते आसात.तांची वेगवेगळया विशयांचेर चार पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत.ताणी समाजवादी युवक दर आनी समता आंदोलनांत सक्रीय वांटो घेतिल्लो. ताणी आयजवेर वसंत व्याख्यानमाळ,पुणें,छत्रपती शाहू म्हाराज व्याख्यानमाळ,तशेंच अशी पानसरे व्याख्यानमाळ कोल्हापूर,वर्धा व्याख्यानमाळ कोल्हापूर आदीं व्याख्यानमाळांनी साबार विशयांचेर व्याख्या नां दिल्यांत.तांच्या साहित्यीक,आनी सामाजीक वावराखातीर म्हाराष्ट्रांतल्या

साबार संस्थांनी पुरस्कार भेटोवन भोवमानीत केल्यात. तांच्या व्याख्यानाचो सगळयांनी लाव घेवचो अशें कोंकणी भाशा मंडळान मागलां.